Panaji National 14th May 2025 8.40am

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी क्षयरोग निर्मूलनाखातीरची  भारताची वचनबद्धताय स्पश्ट केल्या आनी प्रभावी रणनितीचेर भर दिला.

केंद्रीय इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी काल  दोन नव्या अत्याधुनीक डिझायन सुविधांचें उक्तावण केलें.

न्यायमूर्ती भूषण रामकृष्ण गवई आज ५२ वे सरन्यायाधीश म्हणून सोपूत घेतले.

नामनेच्या कान फिल्म महोत्सवाची काल भव्य सुरवात जाली.

खेलो इंडिया युथ गॅमेसात, महाराष्ट्रान  १२० पदकां मेळोवन  पदकतालिकेत वर्चस्व राखला.

PM TB – 195

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल नवी दिल्लींत  तांच्या निवासस्थानार राष्ट्रीय क्षयरोग निर्मूलन कार्यावळी विशी उंचेल्या पांवड्यावेल्या नियाळ बसकेची येजमानकी चलयली. 2024 वर्सा क्षयरोग दुयेंती बेगीन निदान आनी उपचार करपाच्या मळार जाल्ले म्हत्वाचे प्रगतीची तोखणाय करून प्रधानमंत्र्यांनी देशभरात यशस्वी धोरणा वाडोवपाचे आवाहन केले. भारतांतल्यान क्षयरोग ना करपाच्या भारताच्या वचनबद्धतेचो तांणी पुनरुच्चार केला.

हालींच सोंपिल्ल्या शंबर दिसांच्या टीबी मुक्त भारत मोहिमेक प्रधानमंत्र्यान नियाळ घेतलो, जातूंत  उच्च-कैंद्रित जिल्ह्यांचो आस्पाव आशिल्लो. ज्यांतूंत 12 कोटी 97 लाख संभाव्य दुयेंतींची तपासणी केल्ली. तातूंतले 7 लाख 19 हजार क्षयरोगाचे दुयेंती

सांपडले, तातूंत 2.85 लाख क्षयरोगाची लक्षणां नाशिल्ले दुयेंतीचो आस्पाव आशिल्लो.

एक लाखां वयर नवे निक्षय मित्र ह्या मोहिमे वेळार ह्या यत्नांत सामील जाले, जें जन भागीदारी खातीर एक आदर्श जालां. शारी किंवा ग्रामीण भागाचेर, तसेच व्यवसायाचेर आधारित क्षयरोग दुयेंतीच्या प्रवृत्तीचें कल लक्षात घेवन ताचे विश्लेशण करपाची गरज आसा अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. खास करून बांदकाम, खण, कापड गिरणी आनी हेर क्षेत्रांतल्या कामगारांच्या गटांची वळख करपाक हें उपेगी थारतलें, जांकां सुरवातीची चांचणी आनी उपचार करपाची गरज आसा. क्षयरोग ना करपा खातीर एक मुखेल पावल म्हूण जन भागीदारीच्या माध्यमांतल्यान नितळसाणेचें म्हत्व प्रधानमंत्र्यांनी अधोरेखित केले.

हे बसकेंत कैंद्रीय भलायकी मंत्री जगत प्रकाश नड्डा, प्रधानमंत्र्यांचे मुखेल सचीव डॉ.पी.के.मिश्रा आनी हेर वरिश्ठ अधिकारी हाजीर आशिल्ले.

PM – 80

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी पाकिस्तानाक कडक संदेश दित म्हळें की, पाकिस्तानात अशी खचीच सुवात उरूंक ना जय दहशतवाद्यांक शांततेत श्वास घेवंक मेळटलो. तांणी म्हणलें, आतंकवाद्यांक तांच्या घरांत सोपोवपाची तांक भारता कडेन आसा. पंजाबातल्या आदमपूर हवाई दल तळाचेर हवाई दलाच्या कर्मचाऱ्यांक संबोधित करतना मोदी हाणी हे सांगले. ऑपरेशन सिंदूराच्या यशाची तोखणाय करतना, प्रधानमंत्र्यांनी म्हळें, भारतान पाकिस्तानांतले णव आतंकवादी तळ नश्ट केल्यात आनी शंबरां वयर आतंकवाद्यांक मारल्यात. ऑपरेशन सिंदूराच्या यशाची तोखणाय करतना प्रधानमंत्र्यानि म्हळें हे भारताच्या धोरण, हेत आनी निर्णायकतेचें जैत आसा.

Vaishnaw – 90

केंद्रीय इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी काल नोएडा आनी बेंगळुरू हांगा दोन नव्या अत्याधुनीक डिझायन सुविधांचें उक्तावण केलें. नवीन सुविधेचे वेगळेपण अधोरेखित करतना केंद्रीय मंत्र्यांनी म्हळें की, अत्याधुनीक 3 नॅनोमीटर चिप डिझायनाचेर काम करपी हें भारताचें पयलें डिझायन केंद्र आसा, जें जागतीक semiconductor नवनिर्माण समुदायांत भारताची सुवात घटमूट करपाक एक मुखेल वाटचिरो थारतलें.

भारताच्या सेमीकंडक्टर परीसंस्थेच्या वाडट्या गतीचेर उजवाड घालतना तांणी सांगलें, उत्तर प्रदेशांत ह्या मुखेल सेमीकंडक्टर डिझायन केंद्राचें उक्तावण हें देशभरांत उपलब्ध आशिल्ल्या समृद्ध प्रतिभेचो वापर करपी पुराय भारतीय परिसंस्था विकसीत करपाचें दिकेनं एक म्हत्वाचें पावल आसा.

CJI – 35

न्यायमूर्ती भूषण रामकृष्ण गवई आज ५२ वे सरन्यायाधीश म्हणून सोपूत घेतले. राष्ट्रपती भवनांत जावपी खाशेल्या सुवाळ्यांत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू न्यायमूर्ती गवइ हांकां सोपूत दितल्यो.

काल निवृत्त जाल्ले सरन्यायाधीश संजीव खन्ना हांची सुवात न्यायमूर्ती बीआर गवई घेतले.

Ayurveda – 105

सरकारान अधिकृतपणान 23 सप्टेंबर हो दिस 'आयुर्वेद दिस' म्हणून मनोवपाचो थारायला. राजपत्रित अधिसूचनेवरवीं हो बदल अधिसूचित केला. आता मेरेन धनत्रयोदशीक आयुर्वेद दिस मनयताले अशे आयुष मंत्रालयान म्हळां. आयुर्वेद ही

एक शास्त्रीय, परिणाम-सिद्ध आणि सर्वंकष औषध प्रणाली म्हणून तिचो प्रसार करपाखातीर दरवरसा आयुर्वेद दिस मनयतात.

येता त्या दशकात धनत्रयोदशीच्या तारखेत 15 ऑक्टोबर ते 12 नोव्हेंबर या मजगती खूपच बदल जावपाचे आशिल्ल्यान हो दिस राष्ट्रीय वा आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार मनोवपा खातीर लॉजिस्टिक आव्हाना निर्माण जावपाक शकतली, असे मंत्रालयाच्या लक्षात आयले.

नव्यान थारायिल्ली तारीक आपणावची आनी दर वर्सा 23 सप्टेंबराक आयुर्वेद दिसाच्या उत्सवात सक्रीयपणान वांटो घेवचो अशें मंत्रालयान नागरिकांक, भलायकी वेवसायीकांक, शिक्षणीक संस्थांक, आनी आंतरराष्ट्रीय भागीदारांक आवाहन केलां.

Inflation – 90

अन्नधान्यांच्या दरांत व्हड प्रमाणांत घट जाल्ल्यान, भारतांतली किरकोळ चलनवाड मार्च म्हयन्यांत 3.34 टक्क्यांनी आशिल्ली ती एप्रीलांत 3.16 टक्के जाली. सांख्यिकी आनी कार्यावळी अंमलबजावणी मंत्रालयान जाहीर केल्ल्या आंकड्यां प्रमाण जुलय, 2019 उपरांत हि वर्स दर वर्साची सगळ्यांत उणी चलनवाड आसा. मजगतीं, गांवगिऱ्या वाठारांनी चलनवाड 2.92 टक्के आनी शारांतल्या वाठारांनी 3.36 टक्के आसा. मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण एप्रील म्हयन्यांत प्रमुख महार गाई दर आणि अन्नधान्याच्या महारगाई दरात लक्षणीय घट जाल्या. हे मुखेलपणान भाजीपालो, दाळ आनी उत्पादनां, फळां, मांस आनी नुस्तें, वैयक्तीक जतनाय आनी परिणाम, कड्डणां आनी उत्पादनांची चलनवाड उणी जाल्ल्यान जालें.

Coal – 90

एप्रील 2024 ते फेब्रुवारी 2025 ह्या काळांत देशांत कोळशाची आयात फाटल्या अर्थीक वर्साच्या त्याच कालावधीच्या तुलनेत 9.2 टक्क्यांनी उणी आशिल्ली.

फाटल्या वर्सा एप्रील ते अंदूं फेब्रुवारी मेरेन देशांत कोळशाची आयात 22 कोटी टन परस चड मात्शी आशिल्ली, जाल्यार फाटल्या वित्तीय वर्साच्या त्याच काळांत ती सुमार 24 कोटी 20 लाख टन आशिल्ली अशें कोळसो मंत्रालयान निवेदनांत सांगलां. आयात उणी जाल्ल्यान सुमार 6.93 अब्ज डॉलर परकी चलनाची बचत जाल्या अशें निवेदनांत म्हणलां. तशेंच एप्रिल 2024 ते फेब्रुवारी 2025 हया काळांत फाटल्या वर्साच्या तुळेंत कोळसो आदारीत वीज निर्मितींत 2.87 टक्क्यांनी वाड जाल्या.

Cannes – 85

नामनेच्या कान फिल्म महोत्सवाची काल फ्रेंच रिव्हिएरात भव्य सुरवात जाली. 12 दिसांच्या 78व्या कान फिल्म फेस्टिवलांत संवसारीक नामनेचे फिल्म निर्माते, सितारे आनी सिनेमा मोगी एकठांय येतले. उक्तावण सुवाळ्यांत नामनेचो अमेरिकन अभिनेतो, निर्मातो आनी दिग्दर्शक रॉबर्ट डी नीरो हाका  मानद पाम डी'ओर सम्मान भेटयलो.  नामनेचो अभिनेतो लिओनार्दो डिकॅप्रियोन ताका हो भोवमान भेटयलो.

IMD – 65

भारतीय हवामान खात्यान (IMD) आयज आसाम आनी मेघालयात काय सुवातींनी उटनगार ते अति उटनगराच्या पावसाचो अदमास उक्तायला. फुडले  तीन दिस अरुणाचल  प्रदेश, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा, आसाम  आनी  मेघालयात घोग्यांनी पावस पडटलो असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. फुडल्या तीन दिसांत  मध्य  प्रदेश, विदर्भा, छत्तीसगड, अस्तंत  बंगाल, सिक्किम, आनी  बिहारात गडगड,आनी जोगला मारून आनी वादळी वाऱ्या बरोबर  हलको ते मध्यम पावस पडपाचो अदमास खात्यान उक्तायला.

Adi Kailash – 25

उत्तराखंडांत आयज नैनीताल जिल्हयांतल्या काठगोदमांतल्यान आदि कैलाश आनी ओम पर्वत यात्रा सुरू जाता. कुमांव मंडळ विकास निगमान यात्रेकरुंचे सोयी खातीर आनी सुरक्षे खातीर व्यापक वेवस्था केल्या.

Khelo India – 70

खेलो इंडिया युथ गॅमेसात, महाराष्ट्रान धाव्या दिसा नव्या सर्तीनी आनीक पदकां जिखून पदक तालिकेत १०० पदकांचो ट्प्पो पार केलो. महाराष्ट्रान १२० पदकांसंयत पदकतालिकेत वर्चस्व राखला, हातूंत ४६ भांगरा आणि ३८ रुप्या पदकांचो आस्पाव जाता. राजस्थान 19 भांगरा आनी 9 रुप्या पदकां सयत 42 पदकां घेवन दुसरे सुवातेर आसा. हरियाणा 17 भांगरा आनी 13 रुप्या पदकां सयत 57 पदकां घेवन तिसऱ्या सुवातेर आसा. कर्नाटक चवथ्या सुवातेर आसा. खेळो इंडिया युथ गेम्सचो फाल्यां बिहारांत समारोप जातलो.